कला आनी संस्कृती खात्याच्या गणेशोत्सव देखावो सर्तीचो निकाल

ता. 11 सप्टेंबर 2019

कला आनी संस्कृती खात्यान दर वर्सा प्रमाण ह्या वर्सा गणेश चतुर्थीच्या उत्सवात भौशीक गणेश उत्सव मंडळांखातीर आयोजीत केल्ल्या राज्यपातळीवयल्या देखावो सर्तीचो निकाल जाहीर केला. ह्या वर्सा सर्तीत वट्ट 28 गणेश उत्सव मंडळांनी-संस्थांनी वाटो घेतिल्लो. सर्तीचे पयले 25,000/- रूपयांचे बक्षीस चार रस्ता भौशीक गणेश उत्सव मंडळ, चार रस्ता काणकोण, दुसरे 20,000/- रूपयांचे बक्षीस ब्रह्मेश्वर युवक संघ, आखाडा- सांतइस्तेव, तिसवाडी आनी तिसरे 15,000/- रूपयांचे बक्षीस भौशीक गणेश उत्सव मंडळ, तुडव- नेत्रावळी, सांगे हांका फावो जाला.

जाल्यार उमेद वाडोवपी प्रत्येकी 7,000/- रूपयांचे बक्षीस गोंय राखीव पुलीस दळ आल्तीन- पणजी, श्री शांतादुर्गा महादेव प्रतिश्ठान गणेश उत्सव मंडळ कवळे- फोंडा, बेतीचा विघ्नहर्ता मालीम- बेती, युवा पणजी,मळा-पणजी आनी भौशीक गणेश उत्सव मंडळ, देऊळवाडा-कासरवर्णे, पेडणे हांक फावो जाला. राज्य पावंड्यावयल्या देखावो सर्तीचे परीक्षक म्हुण श्री. दीपक गाड, एकनाथ महाले आनी नागेश सरदेसाय हांणी काम पळयले. सर्तीतल्या जैतवंतांक बक्षीसां आनी प्रमाणपत्रां कला आनी संस्कृती खात्याच्या विशेश कार्यक्रमात भेटयतले आनी कार्यक्रमाची तारीख उपरांत कळयतले.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/567

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA
PHONE-0832-2422675